# कोंकणी भाशा मंडळ

# कोंकणी भाशा मंडळ

# गोंय

# नेमावळ

1) संस्थेचे नांव : संस्थेचे नांव कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय अशें आसतलें.

2) संस्थेच्या कचेरेची सुवात : संस्थेची कचेरी कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर, आकें, मडगांव, गोंय. 403 601 हांगा आसतली.

3) संस्थेची भास : संस्थेची घटना, नेम, पत्रवेव्हार, पुस्तकां, हिशेब, वर्सुकी नियाळ आनी हेर कोंकणीं तल्यान आनी गरज पडटा थंय इंग्लीशींतल्यान आसतले.

4) संस्थेचो उद्देश : कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती हाचे उदरगतीक पालव दिवप आनी कोंकणी उलोवपी लोकांचे सांस्कृतीक हितसंबंध फुडें व्हरप.

5) हो उद्देश तडीक व्हरूंक मंडळ सकयल बरयिल्लो वावर करतलें.

   i. बसका, सभा, प्रदर्शनां, जमाती, परिसंवाद, परिशदो, संमेलनां बी वेळोवेळ घडोवन हाडप,
   ii. पुस्तकां- कोठयो आनी वाचपघरां चलोवप,
   iii. कोंकणी शाळा आनी वर्ग चलोवप आनी कोंकणी शिक्षणाखातीर साहित्य तयार करप,
   iv. मुळाव्या, माध्यमीक, उच्च माध्यमीक, विद्यापीठ पांवड्यार शिक्षणाचो प्रसार करप,
   v. कोंकणी शिकोवपा खातीर शिक्षक तयार करप आनी तांचे खातीर वर्ग चलोवप,
   vi. शब्दकोश आनी उतरावळी संपादून उजवाडाक हाडप,
   vii. कोंकणी साहित्याच्या अभ्यासाक पालव दिवप आनी तें उजवाडाक हाडप,
   viii. कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती हांच्या संबंदान संशोधन करप, संशोधनाक पालव दिवप आनी तें संशोधन उजवाडाक हाडप,
   ix. कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती हांचे उदरगती खातीर कलेच्या मळार वावर करप वा तसल्या वावराक पालव दिवप, आनी
   x. ह्या कलमांत सांगिल्ल्या मळांचेर वावर करतल्या सरकारी वा हेर संस्थावांगडा काम करप.

6) संस्थेचे कार्यक्षेत्र : गोंय राज्य हें मंडळाचें कार्यक्षेत्र आसतलें.

7) संस्थेचो निधी : मंडळाक मालमत्ता एकटावपाचो आनी तयार करपाचो अधिकार आसतलो. संस्थेचो निधी सर्व सादारण पणान असो जमतलो.

   i. सभासदा कडल्यान आयिल्ली वर्गणी आनी प्रवेश फी.
   ii. सभासदां कडल्यान वा हेरां कडल्यान जमयिल्ली सदांची वा नैमित्तीक देणगी वा पटी.
   iii. लोकां कडल्यान मेळिल्ली कायमची सशर्त गुंतवणूक.

iv. धर्मदाय संस्था, सरकारी खातीं वा सरकारी संस्था कडल्यान मेळिल्लें अनुदान.

v. सांस्कृतीक वा हेर कार्यावळींतल्यान उबो जाल्लो निधी.

vi. मंडळाचें सभाघर वा मंडळाची सामुग्री भाड्याक दिवन आयिल्लो निधी.

vii. खाजगी आस्थापनां कडल्यान वा लोकां कडल्यान जायरात वा कार्यावळी पुरस्कृत करपाक मेळिल्लो निधी.

viii. दान, सांस्कृतीक वा हेर कार्यावळी हांतूंतल्यान उबो जाल्लो तशेंच लोकां कडल्यान आयिल्लो आनी हेर मार्गान मेळयिल्लो दुडू मेळून मंडळाचो फंड जातलो.

ix. मंडळाच्या ह्या दुडवांचो वेव्हार वावुरपी समिती पळयतली. दुडू 1961 च्या इन्कम टॅक्स कायद्यांतल्या 13 (1) डी आनी (5) ह्या कलमांतले तजविजे प्रमाण वेव्हारांत घालतले.

x. वांगडी पटयेंतल्यान आयिल्लो दुडू हो मंडळाचो राखीव निधी आसतलो. मंडळाच्या वावराखातीर वावुरपी समितीक राखीव निधींतलो दुडू काडूंक मेळचो ना, मात त्या निधीचें कळंतर खर्चूंक मेळटलें. राखीव निधींतल्यान दुडू काडपाचो आसल्यार वावुरपी समितीक ताचीं कारणां दिवन आनी कितलो दुडू जाय तें स्पश्ट करून तशी थारावणी साबार बसकेमुखार मांडची पडटली आनी कार्यावळ पत्रिकेंत तो मुद्दो घालचो पडटलो. साबार बसकेक हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यां मदल्या 2 / 3 वांगड्यांनी मान्यताय दिल्यारूच आनी थारावणेंत सांगता तितलोच दुडू रीण म्हणून वावुरपी समितीक काडूंक मेळटलो.

8) <u>संस्थेचे बँक खातें</u>:

संस्थेची खातीं राश्ट्रीयकृत बँकेंत वा राज्य पांवड्यावेल्या सहकारी बँकेंत आसतलीं आनी बँकां कडले वेव्हार भांडारी आनी अध्यक्ष वा भांडारी आनी सरचिटणीस हे संयुक्तपणान करतले.

9) <u>अर्थीक वर्स</u> :

1 एप्रील ते 31 मार्च हें मंडळाचें अर्थीक वर्स आसतलें.

10) <u>सभासद तांचें सभासदत्व आनी तांची नेमणूक</u> :

मंडळाची घटना मान्य आशिल्ल्या आनी पिरायेचीं अठरा वर्सां पूर्ण जाल्ल्या खंयच्याय जातीच्या, पंथाच्या वा धर्माच्या मनशाच्यान मंडळाचो वांगडी जावचे खातीर अर्ज करूं येता. पुणून ती व्यक्ती एक तर मूळ गोंयकार आसपाक जाय नातर तिचो गोंयांत 15 वर्सां वयर राबितो आसूंक जाय. मंडळाचे कार्यकारिणीक वांगडी पदाचो अर्ज स्वीकारपाचो वा न्हयकारपाचो पुराय अधिकार आसतलो. गरज पडल्यार 15 वर्सां राबित्याचो दाखलो मागपाचो अधिकार मंडळाचे कार्यकारिणीक आसतलो. वांगडी पदाचो अर्ज न्हयकारल्यार अर्जा वांगडा जमा केल्ली फी अर्जदाराक परत दिवची पडटली, आनी वांगडी पदाचो अर्ज न्हयकारपा फाटली कारणां दिवपाखातीर कार्यकारिणी बांदिल्ली आसची ना. वांगडी पदाचो अर्ज न्हयकारल्यार अर्जदाराक तशें लेखी कळोवचें पडटलें.

11) मंडळाचे फुडले तरेचे वांगडी आसतले :

अ) दान दिवपी वांगडी – 5000 वा अधिक रुपया एकेच गांठीन दिवपी.

आ) सर्वकाळ वांगडी - 200 रुपया भरून जावपी वांगडी.

इ) जांणी मोलादीक वावर करून कोंकणी भास, साहित्य, संगीत, लोकवेद, संस्कृती वा गोंयची अस्मिताय सांबाळपा खातीर हातभार लायला तांकां भौमान्य वांगडी म्हणून मानून घेवपाचो अधिकार मंडळाचे कार्यकारिणीक आसतलो.

12) सभासदांचे अधिकार (भौमान्य वांगडी सोडून) :

अ) कार्यकारिणीचे वांगडी वेचून काडप.

आ) संस्थेच्या बसकांच्या नेमावळी प्रमाण सादारण वा असादारण बसका आपोवप.

इ) वावुरपी समितीच्या सरचिणीसाक 30 दिसांची कळोवणी दिवन संस्थेचो हिशेब वा हेर संबंदित कागदपत्रां तपासप.

ई) मंडळाच्या वावुरपी समितीचो कारभार हरकत घेवपासारको आसल्यार वा संस्थेच्या हिताआड आसल्यार तशेंच मंडळाच्या खंयचेय कामाचेर विचार करपाखातीर, सभासद वळेरेच्या 1/6 वांगड्यांच्या सयेन अर्ज करप. अशा वेळार वावुरपी समितीन सभासदांचो अर्ज मेळिल्ल्याच्या 45 दिसां भितर असाधारण बसका आपोवची पडटली.

13) वावुरपी समितींत सकयल दिल्ल्या सभासदांचो आस्पाव नासतलो :

1) दोन वर्सां परस कमी काळ मंडळाचो वांगडी आशिल्लो सभासद.
2) जर सभासद संस्थेचो पगारी नोकर आसल्यार.
3) जर सभासद संस्थेक चड काळा खातीर देवीत (डिफॉल्टर) आसल्यार.
4) सभासद वेंचणूके पयलेंच्या फाटल्या सलग पांच साबार बसकां मदल्या एका य बसकेक हाजीर नासल्यार.

वयर दिल्ल्या सभासदां भितर आस्पाव नाशिल्ल्या सभासदाक वावुरपी समितीचो सभासद जावंक, नांव सुचोवंक वा अनुमोदन दिवपाचे हक्क आसतले.

14) सभासदत्व रद्द करपाची कृती

अ) जर खंयच्याय सभासदाक आपलें सभासदत्व रद्द करपाचें आसलें, तर ताणें वावुरपी समितीच्या सरचिटणीसाक एक म्हयनो पयलीं लेखी स्वरुपांत कळोवचें पडटलें आनी सभासदान मंडळाचीं देणीं आसल्यार फारीक करचीं पडटलीं.

आ) संस्थेच्या ध्येय, धोरण आनी हिता आड वावुरिल्ल्या खंयच्याय सभासदाचें सभासदत्व तात्पुरतें वा सदांकाळ रद्द करपाचो हक्क संस्थेच्या साबार बसकेक आसतलो.

15) <u>साधारण साबार बसका :</u>

अ) दर वर्सा जून म्हयन्याच्या निमण्या सप्तकांत मंडळाच्या वांगड्यांची साबार बसका जातली. ही बसका खाला सांगिल्लो वावर करतली :

i. वावुरपी समितीन मांडिल्ल्या वर्सुकी नियाळाक मान्यताय दिवप आनी तपासून घेतिल्लो हिशेब मानून घेवप.

ii. वावुरपी समितीन मांडिल्ली फुडल्या अर्थीक वर्साच्या वावराची कार्यावळ आनी जमा-खर्चाचें अदमासपत्रक हांकां मान्यताय दिवप.

iii. आदीं कळीत केल्लो वा अध्यक्षांनी मान्यताय दिल्लो हेर वावर करप.

आ) दर तीन वर्सांनी एप्रील म्हयन्याच्या निमाण्या सप्तकांत मंडळाच्या वांगड्यांची साबार बसका जातली आनी ती खाला दिल्लो वावर करतली :

i. अंतर्गत ऑडिटरान दिल्लो नियाळ मुखार दवरप.

ii. फुडल्या तीन वर्सां खातीर अंतर्गत ऑडिटर नेमप.

iii. वावुरपी समितीच्या बारा वांगड्यांची वेंचणूक करप.

iv. अध्यक्षांचे मान्यतायेन आनीक कसलोय वावर करप.

इ) मंडळाच्या वावरा खातीर रीण काडप आनी तेखातीर मंडळाची कसलीय मालमत्ता घाण दवरप हो अधिकार साबार बसकेक आसतलो. मंडळाची कसलीय मालमत्ता घाण दवरपाचो अधिकार वावुरपी समितीक नासतलो. मंडळाच्या वावरा खातीर कळंतर विरयत रीण घेवपाचो अधिकार वावुरपी समितीक आसतलो.

ई) मंडळाच्यो सगल्यो वेंचणुको गुप्त बॅलट पद्धतीन जातल्यो.

16) <u>गणपूर्ती आनी कळोवणी :</u>

अ) वावुरपी समितीच्यान आपणाक जाय तेन्ना वा उण्यात उण्यो सभासद वळेरेच्या 1/6 वांगड्यांच्यो निशाण्यो घेवन आयिल्ल्या मागण्यांक धरून खाशेली साबार बसका आपोवं येता. असली खाशेली साबार बसका वावुरपी समितीन मांडिल्ल्या वा वांगड्यांच्या मागणी पत्रांत बरयिल्ल्या प्रस्नांचेर विचार करतली. मात बसकेची खबर वांगड्यांक आदीं कळयतना बसके मुखार कसले विशय आसतले तें कळोवचें पडटलें.

आ) खंयचीय साबार बसका आपयतना उण्यांत उण्या 15 पूर्ण दिसां आदीं वांगड्यांक स्पश्टपणान कळीत करचें पडटलें. सगल्या सभासदांक पत्रां धाडून वा गोंयांतल्या खंयच्याय एका दिसाळ्यांतल्यान जायरात / बातमी घालून वांगड्यांक कळोवचें पडटलें.

इ) सगल्या साबार बसकांक मंडळाच्या सगल्या सभासद वळेरेच्या 1/6 वांगड्यांचो कोरम जातलो. कोरम ना म्हूणून अर्द वर फुडें दवरिल्ले साबार बसकेक कोरम लागचो ना.

17) <u>खासा साबार बसका / असादारण बसका :</u>

अ) मंडळाचो अध्यक्ष ह्या खासा साबार बसकेचें आनी असादारण बसकेचें यजमानपण करतलो वा हाजीर आशिल्ल्या खंयच्याय सभासदाक बाकिचे सभासद बसकेचो यजमान म्हुणून वेंचून काडटले आनी तो सभासद बसका चलयतलो. ही बसका गरज आसता तेन्ना अध्यक्ष वा सभासद आपयतले.

आ) फाटल्या खासा साबार बसकेचो वा असादारण बसकेचो वृत्तांत मानून घेवप.

इ) फाटल्या साबार बसकेंत मानून घेतिल्ल्या थारावाचेर 6 म्हयन्यां भितर आपयिल्ल्या साबार बसकेंत फेरविचार जांवचो ना. पुणून आकांत काळा खातीर / आपत्काळा खातीर बसकेक हाजीर आशिल्ल्या 2 / 3 वांगड्यांनी मान्यताय दिल्यार त्याच थारावाचेर फेरविचार जांव येता.

18) <u>वावुरपी समिती :</u>

i. मंडळाचो कारभार वावुरपी समिती सांबाळटली.

ii. दोन वर्सां वा अदीक काळ मंडळाचो वांगडी आशिल्ल्यानूच वावुरपी समितीचो वांगडी जावं येता.

iii. वावुरपी समितीचे वेंचून आयिल्ले वांगडी आपणां मदल्यान स पदाधिकारी वेंचून काडटले ते अशे : एक अध्यक्ष, एक उपाध्यक्ष, एक भांडारी, एक सरचिटणीस आनी दोन जोडचिटणीस.

iv. अस्तमती वावुरपी समिती जून म्हयन्याच्या निमण्या सप्तकांत उदेते वावुरपी समितीकडेन ताबो दितली.

v. उण्यांत उणीं दोन वर्सां वांगड्यांचे वळेरेंत नावां आशिल्ल्या सभासद वळेरेच्या 1/6 वांगड्यांक वावुरपी समितीच्या एका वा अदीक वांगड्यांचेर वा अख्खे वावुरपी समितीचेर अविस्वासाची थारावणी हाडूं येता. अशी थारावणी मंडळाच्या कार्यालयांत पावतकूच 45 दिसांभितर वावुरपी समिती खाशेली साबार बसका आपोवन ती थारावणी बसके मुखार दवरतली. कार्यावळ पत्रिकेंत थारावणेचो आस्पाव आसतलो. थारावणेचेर चर्चा करपाचो अधिकार वांगड्यांक आनी चर्चेक जाप दिवपाचो अधिकार संबंदीत वांगड्यांक / वावुरपी समितीक आसतलो. ही थारावणी मतदानाक घालतकूच हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यां मदल्या 2/3 वांगड्यांनी ती मानून घेतली जाल्यार त्या दिसाच्यान संबंदीत वांगड्यांचो / वावुरपी समितीचो अधिकार सोंपतलो.

vi. 18 (v)कलमाखाला अख्खे वावुरपी समितीचे आड थारावणी साबार बसकेन मानून घेतली जाल्यार पांच वांगड्यांची अस्थाई समिती वेंचून काडपाचो अधिकार तेच साबार बसकेक आसतलो. हे अस्थाई समितीन 45 दिसांभितर नवी वावुरपी समिती वेंचून काडपाच्या वावराक आरंभ करूंक जाय.

19) वावुरपी समितीचो कार्यकाळ आनी नेमणूक :

i. वावुरपी समितीचो कार्यकाळ 3 वर्सांचो आसतलो.

ii. वावुरपी समितीची वेंचणूक मंडळाच्या वेचणूक नेमाप्रमाण जातली.

20) वावुरपी समितीची बसका आनी कार्य :

i. वावुरपी समितीची बसका सामान्यतायेन दोन म्हयन्यांतल्यान एक फावट भरतली. ती अध्यक्षांचे मान्यतायेन सरचिटणीस आपयतलो आनी चालू कार्यकाळाचे आदले वावुरपी समितीचे पदाधिकारी एक वर्समेरेन ह्या बसकांक खाशेले निमंत्रीत आसतले.

ii. वावुरपी समितीचे बसकेक फावो दिसता तांकां खाशेले आमंत्रीत म्हणून आपोवपाचो अधिकार अध्यक्षांक आसतलो.

iii. अध्यक्ष हाजीर नासलो जाल्यार बसकेचें येजमानपण उपाध्यक्ष चलयतलो आनी दोगूय हाजीर नासल्यार हाजीर, आशिल्ल्या वांगड्यांनी वेंचून काडिल्लो वांगडी सभा चलयतलो.

iv. वावुरपी समितीचे बसकेक आठ वांगडी आसल्यारच कोरम जातलो. कोरम जावंक नाशिल्ल्या कारणान अर्द वर फुडें दवरिल्ले बसकेक कोरमाची गरज आसची ना.

v. वावुरपी समितीचे बसकेंत प्रस्नांची सोडवण भौमतान करतले.

vi. आपत्कालीन वा चड म्हत्वाच्या कामाखातीर बसका कमी काळाची कळोवणी दिवन आपोवपाचो अधिकार वावुरपी समितीक आसतलो. पुणून असल्या बसकांनी वावुरपी समितीचे कमीच आठ सभासद हाजीर आसूंक जाय.

vii. वावुरपी समितीचो खंयचोय वांगडी एके फुडले एक अशा तीन बसकांक हाजीर रावलो ना जाल्यार आनी ताणें दिल्लीं कारणां समितीन मानून घेतलीं नात जाल्यार ताजो जागो रितो जालो अशें मानतले.

viii. वावुरपी समितींतले तिज्या कार्यकाळांत रिते जाल्ले जागे अशे रितीन भरून काडटले:

अ) साबार बसकेन वेंचून काडिल्ल्या वांगड्यांचे पांच वा अदीक जागे रिते जाल्यार वावुरपी समिती पांचवो जागो रितो जाता त्या दिसाच्यान 45 दिसां भितर साबार बसका आपयतली आनी वेंचणुकेन ते जागे भरून काडटली. पुणून वावुरपी समितिचे पांचां परस उणे जागे रिते जाले जाल्यार हे जागे सभासद वळेरेंतल्या दोन वर्सां पुराय जाल्ल्या वांगड्यांक नेमून भरपाचे अधिकार वावुरपी समितीक आसतले.

आ) तालुका प्रतिनिधीचो जागो रितो जालो जाल्यार वावुरपी समितीक सभासद वळेरेंतल्या दोन वर्सां पुराय जाल्ल्या त्या तालुक्यांतल्या वांगड्याक नेमपाचो अधिकार आसतलो.

ix. वेंचणुके खातीर वा मंडळाचे उद्देश आनी घटनेंतली कलमां अदीक बरे रितीन चालीक लावचे खातीर नेमावळी करपाचो अधिकार वावुरपी समितीक आसतलो. मात अशो नेमावळी साबार बसकेन मानून घेतल्या उपरांत लागू जातल्यो.

x. वावुरपी समितीक मंडळाच्या पगारी नोकरां खातीर पगार, सुटी, पगारवाड, जीवन आरक्षण निधी, दंड इत्यादी थारावपाचो आनी नेमावळ तयार करपाचो अधिकार आसतलो.

21) स्विकृत वांगडी :

वावुरपी समितीक तिज्या कार्यकाळांत कितलेय वांगडी स्वीकृत करून घेवपाचो अधिकार आसतलो. मात स्विकृत केल्लो वांगडी, मंडळाचो उणीं तीं दोन वर्सा वांगडी आसचो पडटलो आनी वावुरपी समितींत ताका मताचो अधिकार आसचो ना.

22) मंडळाच्या अध्यक्षाचे आनी उपाध्यक्षाचे हक्क आनी कर्तव्यां :

i. मंडळाचीं कामां आनी कार्यालयाची काळजी घेवपाची जापसालदारकी अध्यक्षाची आसतली.
ii. अध्यक्षाच्या गैरहाजीरेंत ताचे सगले हक्क आनी कर्तव्यां उपाध्यक्षाकडेन सुपुर्द करचे पडटले.

23) सरचिटणीसाचे हक्क आनी कर्तव्यां :

i. अध्यक्षाच्या वा ताच्या गैरहाजीरेंत उपाध्यक्षांच्या पुर्व संमतीन सरचिटणीस वावुरपी समितिच्यो आनी हेर बसका आपयतलो.
ii. मंडळाच्या सगल्या पत्र वेव्हारची जापसालदारकी सरचिटणीस घेतलो.
iii. सरचिटणीस वावुरपी समितीच्या बसकेक हाजीर आशिल्ल्या सभासदांची नोंद करतलो आनी बसकेचो नियाळ बरोवन तो फुडल्या वावुरपी समितीच्या बसकेंत मांडून अध्यक्ष आनी सभासदां कडल्यान संमत करून घेतलो.
iv. सरचिटणीस सादारण साबार बसकेक वा असादारण साबार बसकेक हाजीर आशिल्ल्या सभासदांची नोंद करतलो आनी बसकेचो नियाळ बरोवन तो फुडल्या सादारण साबार बसकेक वा असादारण साबार बसकेंत मांडून सभासदां कडल्यान संमत करून घेतलो.
v. मंडळाच्या मालमत्तेची काळजी सरचिटणीस घेतलो. मंडळाच्या हिताक पुरक अशें काम वावुरपी समितीच्या संमतीन सरचिटणीस करतलो.

24) भांडाऱ्याचे हक्क आनी कर्तव्यां :

i. वर्सुकी येणावळ आनी खर्च हांचो हिशेब भांडारी दवरतलो आनी समितिच्या बसकेंत मांडटलो आनी संमत करून घेतलो.
ii. सभासदांच्या वर्गवारी प्रमाण सभासद नोंदणेची वळेरी भांडारी राखतलो . येणावळीची वसुली नियमीत पणान जाता हें भांडारी पळयतलो आनी सगले हिशेब सारखे दवरतलो.
iii. अध्यक्ष आनी सरचिटणीस हांच्या संगनमतान भांडारी मंडळाचो अर्थ संकल्प तयार करतलो आनी वावुरपी समितीच्या संमतीन मंडळाच्या सादारण बसकेंत मंजुरी घेतलो.

25) घटना दुरुस्ती :

खंयचेय साबार बसकेच्यान हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यां मदल्या 2/3 वांगड्यांनी मान्यताय दिल्यार हे घटनेंतलीं कलमां सुदारूंक येतात, बदलूंक येतात वा काडून उडोवंक येतात. पूण बसकेची खबर वांगड्यांक आदीं कळयतना हे विशींची माहिती दिवची लागतली. मात 1961 या इनकम टॅक्स कायद्यांतल्या 2 (15) आनी 80 (जी) ह्या कलमांक आड येत असो कसलोय बदल घटनेंत करूंक फावना.

26) <u>मंडळाची बरखास्ती:</u>

मंडळ बरखास्त करपाचें वा ताजो कारभार बंद करपाचो जालो जाल्यार, कारभार बंद जाता त्या दिसा मंडळाची जी आस्पत आसा ती मंडळाच्या वांगड्यां मदीं वा वावुरपी समितीच्या वांगड्यां मदीं वांटचे नात. ती आस्पत मंडळाच्या उद्देशांभाशेन उद्देश आशिल्ल्या ट्रस्टाक, सोसायटीक वा संस्थेक जमा करतले. पुणून त्या संस्थेची 1860 संस्था नोंदणी कायद्याखाला नोंदणी जाल्ली आसूंक जाय आनी 1961 या इनकम टॅक्स कायद्यांतल्या 2 (15) आनी 80 (जी) ह्या कलमांअंतर्गतय नोंदणी जाल्ली आसूंक जाय. हाचेखातीर खासा साबार बसका सभासदांक खासा कळोवणी दिवन आपोवची पडटली. ही थारावणी कमीच म्हणल्यार 3/5 सभासदांनी मानून घेवची पडटली, तेन्नाच हें मंडळ संस्था नोंदणी कायदो 1860 च्या अटीनुसार बरखास्त जातलें.